Akashvani Panaji Goa Regional Bulletin 7.25am 19.08.24

गोंयच्या दोतोरांच्या भलायकीखातीर सुरक्षा येवजणेचे उपाय सरकार आखतले. दोतोराच्या सुरक्षेच्या फांटभुयेर भलायकी मळावेले फावी ते नेम कडक करतले, हॉस्पिटलांनी टायट सेक्युरीटी, सीसीटीव्ही सर्वेलन्स, बायला दोतोरांची सुरक्षा खातीर खास पावला उबारतले. हयो उपाय येवजण्यो फकत सरकारी न्ही जाल्यार खाजगी हॉस्पिटलात लेगीत लागु जातल्यो अशें भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला. दोतोर म्हणल्यार जीव वाचोवपी देव, तशेंच देशाची सशक्त घटमुट भलायकी आशिल्ली पिढी घडोवपाक मजेत करतात, ताका लागुन दोतोरांक सेवा दितना सुरक्षा दिवप म्हत्वाचें आसा अशें मंत्री राणे हांणी म्हणला.

कोलकाता दोतोराचेंर बलात्कार करुन तिका जीवेशी मारपाची घडणुक खुप निर्दयी आसा. अशा गुन्हयावात घुसपिल्या गुन्हयावकारांचेर खर कायदयावरवी कारवाय जावपाक जाय. गोंय राज्यात फुडल्या विधानसभा अधिवेशनात दोतोरांच्या सुरक्षेच्या फाटंभुयेंर खासा विधेयक आपूण मांडटलो अशेंय भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें.

कोलक्ताता सरकारान ह्या प्रकरणातल्या गुन्हयावकोसंचर खर कारवाय करपाक जाय अशे भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला.

STORY

दुदसागर घसघश्याचेर ट्रैकिंग खातीर लागू केल्ले दर रड केले बगर पर्यटकाक सेवा दिवचे नात, असो निर्णय कुळेच्या गायडानी घेतला ताका लागून दुसऱ्या दिसा ट्रेकिंगा खातीर आयिल्ल्या शेंकड्यानी पर्यटकांक परत वचचे पडलें. थळावी पंचायत, पुलीस, रान खार्ते तशेंच थळाव्या आमदारान वसका आपोवन चर्चा करपाची मागणी गायडांनी केली.

उदरगन ट्रेकिंगा खातीर वचपी पर्यटकां कडल्यान अचकीत गाँय पर्यटन ब्रिक्क्स-मंडळान १७७ रुपया फी घेवपाक सुरवात केली. तशेंच रान खात्यान प्रवेश शुल्कांत ५० रुपया वाडयल्यात. घसघश्या लागसारा गाँय पर्यटन उदरगत मंडळान खंयचीच सुविधा उपलब्ध करूक ना. ताका लागून अचकीत पर्यटकांक लागून केल्लो दर रद्द करपाची मागणी गायडांनी केली.

आयतारा कुळे वाठारांतल्या गायडांनी रान खात्याच्या गेटी लागसारा वचून बसका घेतली. जो मेरेन रान खात्यान वाडयिल्ले पयशे ५० रुपया आनी गोंय पर्यटन उदरगत मंडळान लागू केल्ले १७७ रुपया हो नवो शुल्क रद्द जायना तो मेरेन पर्यटकांक घेवन ट्रॅकिंगाक वच्चे नात असो निर्णय गायडांनी घेतला,

**नामनेचे लियात्रिस्त आणि साहित्यिक जॉन क्लार हाका दुखेस्त मरण**

कान मडगाव : प्रसिद्ध तियात्र बरोवपी आणि कोकणी साहित्यीक जॉन क्लार फर्नांडीस हांका आन १८ ऑगस्ट दिसा केपे सिमी दुःखेस्त मरण आयले. तांची पिराय ९३ वर्सा आसली. जौन कभार साहित्यीक भात जॉन क्लार या नावान तांका वळखताले. फनांडीस हांका २०२३ वरसा संगीत नाटक अकादमी पुरस्काराने भोवमानीत केले जौन क्लार जाणते पिराये खातिर फर्नांडीस हे फाटलो काय काळ भलायकेन बरे नासले. त्यांच्या फाटल्यान घरकान्न पियेदाद, पुल गोडविन, गोडफ्री आणि ध्रुव गोल्डा असो परिवार आसा. નોખીમ मूळ कोम्बी केचे हांगाचे जॉन क्लार हे फक्त तियात्र लेखकच नासले तर ते या क्षेत्रातले एक संशोधकय जाबन आसले. गोयीतल्या तियात्राचे जडण घडणीत तांचे विलक्षण असे योगदान आसले. ताणी जायते तियात्र बरोवन रंगमंचावर सादर केले. तातुलो पुर्तुगेज कोलवोंत हो तांचो तियात्र फोमाद जाल्लो..

गोय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान गाँय राज्य फोटो सर्त आनी प्रदर्शन येवजण 2014 खाला प्रवेशिकां मागयल्यात. फोटो सर्त दोन विभागांत दोन वेगळ्यां विशयांत घेवपात येतली. विभाग-1 खातीर "गौयांतले अज्ञात पर्यटन स्थळ आनी विभाग-2 खातीर "उपजिवीके खातीर आपरोजगाराक प्रोत्साहन विशय आसा. प्रत्येक प्रवेशिकेच्या फाटल्या वटेन फोटोग्राफरांचे नाव, राष्ट्रीयता, पोस्टाचो नामो, मोबायल नंबर, टेलिफोन नंबर, ई-मेल नामो ब्लॉक लॅटर्सानी बरोवपाक जाय. तशेंच फोटो खातीर वापरिल्ल्या कॅमेराची तांत्रिक म्हायती प्रवेशिके वांगडा जोडपाक जाय. प्रवेशिकेखातीर मोबायलार काडिल्ली प्रतिमा विचारात घेवचाक येवची ना. प्रवेशिके वांगडा 'फोटोची थोडेभितर म्हायती आनी फोटोग्राफराचो वैयक्तिक तपशील चंडांत चड 100 उत्तरांची जोडपाक जाय. प्रवेशिकाधारकांन हाय रिझोल्यूशनच्या फोटवासयत सॉफ्ट कॉपी धाडपाक जाय. प्रवेशिकाधारकांम 12 x 8 आकाराचे कलर प्रिन्ट सादर करपाक जाय आनी प्रत्येक वर्गात चडांत चड 4 वेगवेगळे फोटो धाडपाक शकता. हेया सर्तीत बाटो घेतपा खातीर शुल्कक्षानी, पिरायेची मर्यादा ना आनी पात्रतायेचीय आवश्यकता महोंने ड्रोणावरवीं काडिल्ले फोटो स्विकारचे नात, गोंयांत जल्मल्ल्या आनी फाटली 15 वर्सा गोंयांत राबीतो करप्यांक प्राधान्य दिलले. प्रवेशिके वांगडा, निवास दाखलो जोडपाक जाय.

कला संस्कृतीक मळार, मुखार आशिल्ली भांगराळे गोंय अस्मिताय संस्थेन विवीध उपक्रम चालीक लायल्यात, कला सादरीकरण, निर्मिती, प्रशिक्षण आनी प्रोत्साहन तेचप्रमाण पुरस्कार येवजण असे तरेन वाबुरची ही संस्थान पोरु वर्सा सावन 'घुमट शामेळ वादना प्रशिक्षण कार्यशाळा भायोजीत करूंक सुरवात केल्या. अद् वर्सा, तारीख 20 ऑगस्ट ते 27 ऑगस्ट 2024 इतले मजगती ही कार्यशाळा जातली.

हे वर्सा सावन घुमट शामेळ प्रशिक्षणा वांगडा, गणपती मातीकला कलेचीय खास सत्रां हया 7 दिसांचे कार्यशाळेत, घेवपाचीं अध्धे भांगराळे गोंय अस्मिताय संस्थेच्या युवा विभागान थरयलां.

पोरुं वर्सा जाल्ले अशे कार्यशाळेक मेळिल्लो उपाट प्रतिसाद, अंदू वर्साय कायम उरताम्मे अशे तरेची मागणी इत्सूक प्रशिक्षणार्थी कलाकारां Crown airth arm.. कडल्यान आयिल्ल्यान ही कार्यशाळा बेळार जाहीर करतात.

msins for MITH maી મજા ही कार्यशाळा 20 ऑगस्ट ते 27 ऑगस्ट अशा कार्यकाळांत मारुती मंदीरा मारुती नगर रुमडागळ दवर्ती हांगां जातली. सांजवेळार 5.00 arinen ते 6.00 घुमट- शामेळ वादन प्रशिक्षण जाल्यार 6.00 ते 7.00 मजगती मातीकाम प्रशिक्षण चलतलै.

प्रशिक्षण घेवपी विध्यार्थ्याक समारोप सुवाळ्यांक प्रमाणपत्रां भेटयतले. कार्यशाळेत तयार जाल्ल्या मातिकाम मुर्त्यांचें खास प्रदर्शन, तेचप्रमाण घुमट- शामेळ वादनाची खास कार्यावळील वांटो घेवपी प्रशिक्षणार्थ्यांचे खास सादरीकरण जातलें. कार्यशाळेत वांटो घेवंक इत्सूक आशिल्ल्या तशेंच 10 वर्सा वयर पिरायेच्या प्रशिक्षणार्थ्यांनी नोंद घेवची घुमट-